# फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर स्वातंत्र्य दीस मनयलो

ता: 15 ऑगस्ट 2025

कृशी मंत्री श्री रवी नाईक हांणी आयज फोंडेच्या क्रांती मैदानार आयोजीत 79 व्या स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो आनी पुलीस पंगडाच्या संचलनाची पळोवणी करून मानवंदना दिली. सुरूवातीक कृशीमंत्र्यांन क्रांती मैदानावयल्या हुतात्मा स्मारकाक फुलाहार अर्पण करून आदरांजली ओपली.

ह्या वेळार उलयतना श्री. नाईक हांणी लोकांक स्वातंत्र्य दिनाची परबीं भेटोवन भारत देशाक परकीय राजवटीतल्यान मुक्त करपा खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आर्गां ओपली. तांच्या त्यागाक लागून आयज आमी हो सुवाळो मनयतात, अशें सांगलें.

देशान उदरगतीच्या मळार नेटान पावलां मारतना उद्देग, शिक्षण, सुरक्षा, अशां साबार मळार भरपूर विकास केल्लो आसा. देशाक आत्मनिर्भर करपा खातीर सरकार प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला नेटान वावर करता आनी त्या खातीर लोकांनी सरकाराच्या प्रयत्नांक सहकार्य करपाची गरज आसा, अशें कृशीमंत्र्यान सांगलें.

ह्या वेळार फोंडा वाठारांतल्या विविध शाळांच्या विद्यार्थ्यांनी देशभक्तीचेर गीतां सादर केली.

कार्यक्रमाक एनआरआय आयुक्त श्री. नरेंद्र सावयकार, फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री आनंद नाईक, 6टीटीआर चे कमांडिग ऑफिसर कर्नल निरज नवतीयाल, अतिरिक्त पुलीस उपअधिक्षक शिवराम वायंगणकर , स्वातंत्र्य सैनिक, जिल्हा पंचायत वांगडी, सरंपच, सरकारी अधिकारी, विद्यार्थी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री विशाल कुंडईकर आनी उपजिल्हाधिकारी श्री शुभम नाईक हांणी कृशीमंत्र्याक येवकार दिलो.

श्री. गिरीश वेळगेकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/695

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.